**राज्यपालान 144 कॅन्सर दुयेंतींक अर्थिक मदत भेटयली**

ता. 7 मार्च 2024

आयज राजभवनार आयोजीत कार्यक्रमात राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी राज्यपाल निधीतल्यान 144 कॅन्सर दुयेंतीक अर्थिक मदत भेटयली.

राजभवनाच्या पोरण्या दरबार हॉलांत आयोजीत कार्यक्रमाक राज्यपालांचे सचीव एम. आर. एम. राव आनी अतिरिक्त सचीव श्री. संजीव सी. गांवस देसाय उपस्थित आशिल्ले.

राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी जाहीर केल्ले प्रमाण डायलीसीस, कॅन्सर आनी हेर दुयेंतींक अर्थिक मजत वाटपाचे चालू आसा.

गोंयांत राजभवनान सुरू केल्लो अशा प्रकारचो उपक्रम हेर राज्यांनीय सुरू करून गरजू लोकांक अर्थिक मजत दितात. राजभवनाच्या ह्या उपक्रमाची हेर राज्यांनी तोखणाय केल्ली आसा, अशें राज्यपालान सांगलें.

कॅन्सर दुयेंसाचेर आता सगळीं कडेन उपचार उपलब्ध आसात आनी वेळार उपचार घेतल्यार 80 टक्के दुयेंती बेगीन बरे जातात. अशा दुयेंतींक मानसीक आदार दिवपा वांगडास वैजकी उपचारांचेर भरवसो आसपाक जाय, अशें सांगून राज्यपालान कॅन्सर दुयेंतीं बेगीन बरे जावपाक देवालागी मागले.

सुरवातीक राज्यपालांचे सचीव एम. आर. एम. राव हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो.

राज्यपालान अर्थिक मजतीचे धनादेश संबंदीत अतिरिक्त जिल्हाधिकारी आनी मामलेदारां कडेन दिले.

श्रीमती श्रेया गुरव हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/162

---

Issued by the
Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.